राष्ट्रीय खबरो ३०.०६.२०२५ ८.४० am

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन उत्तर प्रदेशच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतात.
- भलायकी ते समाजीक सुरक्षा मेरेन दर एका क्षेत्रांत संतृप्तीची भावना घेवन देश मुखार वता, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी फुडल्या वर्सामेरेन देशातल्यान माओवादाचे उच्चाटन करपाचो सरकाराचो दृढ निश्चय परत व्यक्त केला.
- बॅडमिंटनात २० वर्साच्या आयुष शेट्टी यूएस ओपन २०२५ जिंकून इतिहास रचलो.
- हेर राज्या वांगडा आज कोंकण आणि गोयातुय पावस आसतलो असो अदमास IMDन उक्तायला

मूरमु 70

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सावन उत्तर प्रदेशच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार वतात. बरेली हांगा भारतीय पशुवैजकीय संशोधन संस्थेच्या ११ व्या तशेच एम्स गोरखपूरचा दीक्षांत समारंभाक ती उपस्थित रावतली. मुखार राष्ट्रपती एम्स गोरखपूरच्या पयल्या दीक्षांत समारंभाकय उपस्थित रावतली. फाल्या राष्ट्रपती मुर्मू गोरखपूरात महायोगी गुरु गोरखनाथ आयुष विद्यापीठाचे उक्तावण करतली आनी महायोगी गोरखनाथ विद्यापीठाकय भेट दितली जय ती त्याचे सभागृह, शैक्षणिक ब्लॉक आणि पंचकर्म केंद्राचे उक्तावण करतली तशेच चलयांच्याच्या नवीन वसतिगृहाची बुन्याद घालतली

MKB 180

मन की बात ह्या आकाशवाणीच्या आपली मासिक कार्यावळीत उलयताना भारताच्या प्रादेशिक, भाषिक आणि सांस्कृतिक विविधतेचो उल्लेख करताना प्रधानमंत्री नरेद्र मोदी हाणी अशे निरीक्षण केले की कला, हस्तकला आणि कुशळतायेची विविधता ही देशाची एक उत्तम गुणवत्ता आसा. मेघालयातल्या एरी सिल्कक जीआय टॅगिंग केल्याविशी उलयताना ताणी म्हणले की ते राज्या खातीर एक दायज, जे आदिवासींनी, विशेषतः खासी समुदायाच्या लोकांनी, पिढ्यानपिढ्या सांबाळला

Byte

भलायकी ते समाजीक सुरक्षा मेरेन दर एका क्षेत्रांत संतृप्तीची भावना घेवन देश मुखार वता, जें समाजीक न्यायाचें एक उत्तम उदाहरण आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी स्पश्ट केलें. देशांतल्या सुमार 95 कोटी लोकांक कसल्या ना कसल्या समाजीक सुरक्षा येवजणेचो फायदो मेळटा म्हणून समाजीक सुरक्षा ही संवसारांतली एक व्हड कव्हरेज अशें मोदी

हांणी सांगलें. या महिन्याच्या २१ तारखेक मनयिल्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाचो उल्लेख करताना, मोदी हाणी म्हणले की, देशभरात आणि जगभरात कोट्यवधी लोकांनी हातुंत भाग घेतलो. अधिकाधिक लोक तांच्या दिसपट्या जीणेत योग आपणायतात. प्रधानमंत्रयानी विशाखापट्टणमच्या दर्यादेगेर तीन लाख लोकांनी एकठाय योग केल्याचे सांगले आनी दोन हजारां परस चड आदिवासी विद्यार्थ्यांनी थंय १०८ मिनिटा १०८ सूर्यनमस्कार सादर केले अशे सांगले.अंदुची थीम लेगीत खूप खास आशिल्ली - एक पृथ्वी, एक भलायके खातीर योग अशे ते उलयले Byte

शाह 170

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी फुडल्या वर्सामेरेन देशातल्यान माओवादाचे उच्चाटन करपाचो सरकाराचो दृढ निश्चय परत व्यक्त केला. त्यांनी स्पष्ट केले की सशस्त्र डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेक्यांकडे कसलीच चर्चा करचे ना. राष्ट्रीय हळद बोर्डाच्या मुख्यालयाचे उक्तावण केल्या उपरांत निजामाबादात किसान संमेलनात उलयताना शाह हांणी माओवाद्यांक आत्मसमर्पण करून राष्ट्रीय मुख्य प्रवाहात सामील जावपाची विनंती केली. शाह हाणी म्हणले की जे लोक बंदुको धरतात आणि आदिवासी, पोलिस आणि जवानांक मारतात ते चर्चेची अपेक्षा करू शकना . हिंसाचाराचो त्याग करपाक इत्सुक आशिल्यां खातीर दारा उघडी आसात हाचेर भर दिवन मंत्र्यांनी डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेक्यांक शस्त्रा दवरून आत्मसमर्पण करपाचे आवाहन केले आणि सांगले की, सरकार अंतिम मुदती मेरेन देशातल्या डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेक्यांक सोपोवपाक वचनबद्ध आसा. Byte

शाह यांनी मुख्यमंत्री ए. रेवंत रेड्डी हांका सतर्क रावपाचे आणि राज्याक माओवाद्यांचो अडडो जावंक दिवपाक आडावपाचे आवाहन केले. मुखार,

शहा म्हणले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी निजामाबादाक राष्ट्रीय हळद मंडळ मंजूर करून हळद उत्पादक शेतकऱ्यांचे आणि जनतेचे ४० वर्षांचे स्वप्न पूराय केले . हळद उत्पादक शेतकऱ्यांच्या कल्याणा खातीर केंद्र वचनबद्ध आसा अशे सांगून ताणी म्हणले की, २०३० मेरेन हळदीची निर्यात एक अब्ज डॉलर्स मेरेन पावपाक जाय

जयशंकर 100

अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हांच्या निमंत्रणा वेल्यान फाल्या जावपी क्वाड परराष्ट्र मंत्र्यांच्या बसकेत वांटेकार जावपाक परराष्ट्र मंत्री एस जयशंकर आजसावन तीन दिसांच्या अधिकृत अमेरिकेच्या दौऱ्यार वतले. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, क्वाड गट मुक्त आणि उक्त्या इंडो-पॅसिफिका खातीर एक समान दृष्टिकोन मुखार व्हरपाक नवीन प्रस्तावांचेर लक्ष केंद्रित करतलो. खास म्हणजे, पहलगाम हल्ल्या उपरांत क्वाड मंत्र्यांची ही पयली बसका आसतली. डॉ. जयशंकर आज न्यू यॉर्कतल्या संयुक्त राष्ट्रांच्या मुख्यालयात "द ह्युमन कॉस्ट ऑफ टेररिझम" या प्रदर्शनाचे उक्तावण करतले. या प्रदर्शनात जगभरातल्या दहशतवादी कारवायां .चो विनाशकारी परिणाम तशेच दहशतवादाचो फुडो करपाक आंतरराष्ट्रीय समुदायान उबारील्या पावलांचेर उजवाड घाला. पाकिस्तान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषदेचे अध्यक्षपद स्वीकारपाच्या एक दिस आदी ही कार्यावळ जाता

UGC 45

विद्यापीठ अनुदान आयोगान देशभरांतल्या 89 संस्थांक, तातूंत चार आयआयटी, तीन आयआयएम आनी अलीगढ मुस्लिम विद्यापीठ सयत

रॅगिंग विरोधी नेमांक पाळो दिवंक नाशिल्ल्यान नोटीस जारी केल्या. यूजीसीच्या रॅगिंग रेग्युलेशन्स, 2009 प्रमाण यूजीसी कडेन संबंदीत आशिल्ल्या दरेका संस्थेन विद्‌यार्थ्यां कडल्यान पालन उपक्रम आनी रॅगिंग विरोधी उपक्रम सादर करचे पडटात.

वैष्णव 120

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी रेल्वे बोर्डाक रेल्वे सुटपाच्या आठ वरां पयली आरक्षण चार्ट तयार करपाची अंमलबजावणी टप्प्याटप्प्यान सुरू करपाचे निर्देश दिल्यात. या निर्णयान प्रतीक्षा वळेरीतली तिकिटा आशिल्या प्रवाशां खातीर अनिश्चितता कमी जातली. प्रतीक्षा वळेरी निश्चित जालीना तर पर्यायी व्यवस्था करपाक अधिक वेळ मेळतलो. दनपारा दोनापयली सुटपी गाड्‌यांखातीर चार्ट आदल्या दिसा राती नवाकुच तयार करचो अशे वैष्णव हाणी भर दिला आनी सांगला की तिकीट व्यवस्था स्मार्ट, पारदर्शक, सुलभ आणि कार्यक्षम आसची. नवीन अपग्रेडेड मॉडर्न पॅसेंजर रिझर्व्हेशन सिस्टीम सध्याच्या भाराच्या धापट हाताळपाक डिझाइन केल्या. रेल्वे मंत्रालयान सांगले की, नवीन आरक्षण प्रणाली प्रति मिनिट एक लाख ५० हजारांपरस चड रेल्वे तिकिटां तयार करपाक सक्षम आसा जी सध्याच्या ३२ हजार तिकिटांच्या क्षमतेच्या सुमार पाच पट आसा. ही नवीन प्रवासी आरक्षण प्रणाली या वर्षाच्या अखेरीक तयार जातली.

यात्रा 60

पांच वर्सांच्या अंतरान आयज कैलाश मानसरोवर यात्रा सुरू जाता. कोवीड महामारीक लागून 2020 वर्सा स्थगीत केल्ली ही यात्रा सिक्किमांतल्या नथुला दर्यादेग आनी उत्तराखंडांतल्या लिपुलेख खिंड मारगान अंदूं जातली. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण जून, जुलय आनी ऑगस्ट म्हयन्यांत ही यात्रा चालू उरपाची शक्यताय आसा. कैलाश पर्वत शिवाचें निवासस्थान मानतात देखून हिंदू, जैन आनी बौध्द लोकांखातीर या तीर्थयात्रेचे आध्यात्मिक महत्त्व खूप आसा.

बिर्ला 70

लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला आज धर्मशालात तपोवनात कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन (सीपीए) च्या झोन-२ च्या वर्सुकी परिषदेचे उक्तावण करतले या झोनात दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर आणि पंजाब ही राज्या आसपावतात. या परिषदेचे उद्दिष्ट लोकशाही संस्थांक बळकटी दिवपाक, सर्वोत्तम पद्धतींचे आदानप्रदान कर पाक आणि समकालीन युगात प्रशासन आणि कायदेविषयक कामकाजा खातीर नाविन्यपूर्ण दृष्टिकोनांचो शोध घेवपाक एक महत्त्वाची माची म्हणून काम करप आसा.

US 90

अमेरिकेच्या हालीच्या हवाय हल्ल्यांक लागुन इराणचो अणुकार्यक्रम नष्ट झाला  या दाव्यांचेर संयुक्त राष्ट्रांच्या अणुनियंत्रण संस्थेच्या प्रमुखांनी गंभीर दुबाव उपस्थित केला. एका टीव्ही चॅनेलाक दिल्या मुलाखतीत, आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा एजन्सी (IAEA) चे महासंचालक राफेल ग्रोसी हाणी म्हणले की तेहरानकडे अजूनय काय महिन्यांत युरेनियम समृद्धीकरण परत सुरू करपाची क्षमता आसा. ताणी म्हणले की, अमेरिकेच्या हवाय हल्ल्यांन जाले नुकसान गंभीर आसले तरी ते पूरापनान नष्ट जावंक ना. ग्रोसिसचे हे विधान अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प ह्यांच्या परत परत केल्या विधानांच्या विरोधात आसा, ज्यांनी असो दावो केला  की अमेरिकेन इराणच्या अणु मुळाव्यो सुविधा पूरायपणान नष्ट केल्यत.

होकी 10

एफआयएच प्रो लीगात भारतीय बायला हॉकी पंगडाक सलग आठवो पराभव पत्करचो पडलो काल राती बर्लिनात चीनान २-३ अशे हारायले

बॅडमिंटन 120

बॅडमिंटनात २० वर्साच्या आयुष शेट्टी यूएस ओपन २०२५ जिंकून या हंगामात बीडब्ल्यूएफ वर्ल्ड टूर जेतेपद जिंकपी पयलो भारतीय खेळाडू जावन इतिहास रचलो. अंतिम फेरयेत आयुषान कॅनडाच्या ब्रायन यांगाचेर २१-१८, २१-१३ असो विजय मेळोवन आपल्या स्वप्नातल्या सर्तीचो शेवट केलो. बायला एकोडीत तन्वी शर्माची उल्लेखनीय कामगिरी अव्वल मानांकित बेईवेन झांग आड तीन गेमच्या संघर्षपूर्ण लढती उपरांत उपविजेती थारली

IMD 30

भारतिय हवामान खात्यान आयज झारखंडांतल्या काय सुवातीनी आनी 5 जुलय मेरेन ओडिशा, बिहार, मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगड चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, कोंकण, गोवा, मध्य महाराष्ट्र, पंजाब, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड आनी विदर्भात आयज पावस पडपाची शक्यताय IMDन उकटायल्या